Panaji Regional 18th May 2025 7.25am

Rashmi

आफ्रीका उपरांत संसारात काजुची चड पिकावळ  गोंयांत घेतात.ताका लागुन गोंयच्या काजु पिकावळीक उर्बा दीवपाक गोंय सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. काल तिसऱ्या cashew fest चे उक्तावण केले उपरांत मुखेलमंत्री उलयताले. explore , empower and enrich ह्या संकल्पनेवरवी पणजे कांपालार  डी.बी .बांदोडकर मैदानाचेर 17-18 मायाक हे आयोजीत केला.

गोंयचो काजु  आनी काजवापासून तयार जावपी जिन्नस,पेय,तशेच हेर वस्तु संसारभर फामाद आसा अशे ह्यावेळार  पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

जाल्यार गोंयचो काजु हो कीतल्याश्याच शेतकाराचे उत्पन्नाचे स्रोत जांवन आसा,गोयच्या ह्या पिकावळीक व्हड माची दीवपाच्या नदरेतल्यान गोय रान म्हामंडळ काम करता अशी म्हायती ह्यावेळार ह्या म्हामंडळाच्यो अध्यक्षा  देविया राणे हाणी म्हणला.

ह्यावेळार रान मंत्री विश्वजीत राणे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

---------------------------------

Rane

केंद्र सरकारान देशातल्या जायत्या राज्यांनी एम्स हॉस्पिटलां बांदल्यांत. गोंयांतय सुसज्ज अशे एम्स हॉस्पिटल सुरु करचे अशी मागणी गाेंय सरकार केंद्राकडेन करतले. ही म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी काल मडगांवां दिली. हे खातीर आपूण रोखडोच केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हांची नवी दिल्लीत वचून भेट घेवन ही मागणी करतलों अशें तांणी सांगलें.मडगांवां घडोवन हाडिल्ल्या एका भलायकी तपासणी शिबिराचे काल सकाळी राणे हांणी उक्तावण केले. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हे हाजीर आशिल्ले.

---------------------------------

अमीत पाटकार

म्हादयचे उदक कर्नाटकाकडे वळोवपाक गोंय प्रदेश काॅग्रेस समीती कशीच दीवची ना,हे वीशी गोंय प्रदेश काॅग्रेस पक्ष खर विरोध करतली अशे विधान काल काॅग्रेसाप्रदेश अध्यक्ष अमीत पाटकार हांणी केला. पणजे काॅग्रेस हावसात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे वेळार ते उलयताले.

म्हादयचे उदक वळयत जाल्यार ताचो गोंयच्या सैमाचेर कसो वायट परीणाम जातलो ते वीशी कांय वैज्ञानीक संस्थानी,तशेच IIT mumbai हांणी लेगीत अहवाल दीला.ह्या अहवालाची प्रत , data आनी research paper कॉंग्रेस पक्ष म्हादय बचाव अभियानाची निमंत्रक निर्मला सावंत हांका दीतले अशीय म्हायती तांणी ह्यावेळार दील्या.ह्या पत्रकार परीशदे वेळार म्हादयचे उदक कर्नाटकाकडेन वळयत जाल्यार ताचो गोय राज्याच्या पर्यावरणाचेर कसो परीणाम जातलो तांची म्हायती presentation माध्यमातल्यान ह्यावेळार खबराकारांमुखार सादर केले.ह्यावेळार दक्षीण गोंयचे खासदार कॅप्टन वारीयेतो फर्नांडीस तशेंच कॉंग्रेसीचे हेर वांगडी हाजीर आशील्ले.

---------------------------------

म्हादयचे उदक

म्हादयचे उदक कर्नाटकावटेन वळयले जाल्यार गोंय राज्याक तातुंल्यान व्हडलोसो धपको बसचो ना अशी सुचोवणी राश्टीय समुद्र विज्ञान संस्थेन म्हादयवीशी तयार केल्ल्या अहवालात म्हळा. मात ह्या अहवालाचो गोंय सरकाराकडे तशेंच सर्वोच्च न्यायालयात सध्या सुरू आशील्ला केशीकडे कायच संबंध ना अशे विधान काल मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. गोय सरकारान वा म्हादय लवादान राश्टीय समुद्र विज्ञान संस्थेक हो अहवाल करपाक सांगुक नाशील्लो. हो अहवाल NIO स्वःत तयार केला. ताका लागुन ह्या अहवालाचो सरकाराकडे वा सध्या कर्नाटकाआड गोंय सरकाराची सर्वोच्च न्यायालयात आशील्ल्या केशीचेर कांयच परीणाम जावचो ना अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

---------------------------------

हवामान

हवामान खात्यान काल सावन फुडले 4 दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जरी केला. 21 तें 22 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आज गोयांत चडांत चड तापमान ३४ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 26 अंश सेल्सियस इतलें आसपाचो अदमास आसा.

---------------------------------

IPL

**IPL क्रिकेट सर्तींत आज राजस्थान रॉयल्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदि जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत दनपारां 3:30 वरांचेर खेळ जातलो, जाल्यार यजमान दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर match सुरु जातली.**

**गतविजेतो कोलकाता नाईट रायडर्स आयपीएल २०२५ तल्यान भायर पडला कारण काल सांजवेळार एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमचेर मुसळधार पावसाक लागून यजमान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आडचो खेळ नाणेफेक न करता रद्द केलो.**

----------------------------------